Panaji national

6.2.25 at 6.30pm

मोदी 200

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आपल्या सरकाराचें उदरगतीचें मॉडेल ‘राष्ट्र पयली’, जे तुष्टीकरणाचेर न्हय तर समाधानाचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें स्पश्ट केलें. लोकांनी ह्या मॉडेलाची चांचणी केल्या, समजल्या आनी ताका तेंको दिला आनी ताका लागून तांणी तिसरे खेपे आपल्या सरकाराक जनादेश दिला अशें तांणी सांगलें. संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या संयुक्त बसकेक राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी केल्ल्या संबोधनाचेर दिल्ल्या धन्यवाद प्रस्तावाक जाप दितना प्रधानमंत्री राज्यसभेंत अशें म्हणलें.काँग्रेसीचेर टिका करतना "सबका साथ, सबका विकास" हें शासन मॉडेल काँग्रेसीक समजूंक शकना कारण पुराय पक्ष एकाच कुटुंबाक समर्पीत आसा. काँग्रेसीन फटवणूक, तुष्टीकरण आनी नातेदारपण हांचे आदर्श आपणायला असो आरोप तांणी केलो. आपल्या सरकारान कुशळटाय उदरगत, अर्थीक समावेश आनी उद्‌देगीकीकरण हांकां प्राधान्य दिलां अशें तांणी सांगलें.

काँग्रेस डॉ. ताका बाबासाहेब आंबेडकराचो दुस्वास करता आनी ताची वेंचणुकेची हार सुनिश्चीत करपा खातीर कसलीच कसर सोडक ना अशे तांणी म्हणले . काँग्रेसीन बाबा साहेबाक केन्नाच भारत रत्न पुरस्कार पात्र अशें मानूंक ना अशें तांणी सांगलें. अनुसुचीत जातींच्या हिताची राखण करपा खातीर आपल्या सरकारान अनुसुचीत जाती

आनी अनुसुचीत जमातींच्या हितांत कायदे घटमूट केल्यात अशें प्रधानमंत्र्यान भर दिलो. दिव्यांगांच्या कल्याणा खातीर सरकारान केल्ल्या यत्नांचेरूय मोदी उलयले. तांणी फुडें सांगलें, आपल्या सरकारान ट्रांसजेंडर समुदाया खातीर कायदेशीर हक्क सुनिश्चीत केल्यात. ओबीसी कमिशनाक घटनात्मक दर्जो दिवपाची बऱ्याच काळासावन आशिल्ली मागणी सरकारान पुराय केल्या अशें तांणी सांगलें

चर्चा 70

संसदेच्या संयुक्त सभागृहात राष्ट्रपतींच्या अभिभाषणावेल्या धन्यवाद प्रस्तावाचेर आज राज्यसभेत परत चर्चा सुरू झाली. भाजपचे सदस्य देवेंद्र प्रताप सिंह म्हणले की, सरकारान शेतकऱ्यांखातीर तांच्या कृषी उत्पादनांक तशेच एससी आणि एसटी समुदायांच्या कल्याणाक किमान आधारभूत किंमत सुनिश्चित करून खुपशो उपाययोजना केल्यात. माजी प्रधानमंत्री एच डी देवेगौडा म्हणले की, गरीब, बायला आणि शेतकरी हांचे कल्याण हे सरकारचे प्राधान्य आसा. अंदुच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पात कृषी, भलायकी आणि शिक्षण यासारख्या क्षेत्रांखातीर अर्थसंकल्पीय तरतूदींचेय तांणी कौतुक केले. .

जयशंकर 105

परराष्ट्र मंत्री एस. जयशंकर हांणी आज सांगले की, देशाभायर शिकपी भारतीय विद्यार्थ्यांची सुरक्षा आणि कल्याण हे सरकारचे प्राधान्य आसा. राज्यसभेत पूरक प्रश्नांक जाप दितना तांणी म्हणले की, संघर्ष

क्षेत्रातल्यान परतील्या भारतीय विद्यार्थ्यांच्या हिताचे रक्षण करपाक सरकारन खुपशो उपाययोजना केल्यात. या विद्यार्थ्यांच्या कल्याणाक सरकार सहानुभूतीशील आणि प्रतिसाद दिता अशेय मंत्र्यांन म्हणले. सरकारन संघर्ष झोनातल्यान शेकड्यांनी विद्यार्थ्यांक परत हाडले अशे सांगून मंत्र्यांन म्हणले की सरकारन युक्रेनमधल्या वैजकीय विद्यार्थ्यांक त्यांचे शैक्षणिक कार्यक्रम तिसऱ्या देशात हस्तांतरित करपाची परवानगी दिली आणि भारतात प्रात्यक्षिक परीक्षांक परवानगी दिली. जयशंकर हांणी मुखार म्हणले की, अशा विभागातल्या विद्यार्थ्यांक खुपशो संधी उपलब्ध करून दिल्यात, कारण देशात फाटल्या 10 वरसत 75 हजार अतिरिक्त वैजकीय सुवाती निर्माण केल्यात.

**महाकुंभ 75**

प्रयागराजांतल्या महाकुंभांत आयज आदिवासी सांस्कृतीक मेळावो 2025 आयोजित केला, जातूंत देशभरांतले 15 हजारां परस चड आदिवासी वांटो घेतले. आमच्या प्रतिनिधीच्या म्हाईती प्रमाण ह्या स दिसांच्या कार्यावळी वेळार आदिवासी लोकांची संस्कृताय आनी परंपरेची राखण करपाची प्रतिज्ञा प्रत्येकजाण घेतले. बिरसा मुंडाच्या १५०व्या जयंतीच्या निमतान २०२५ वर्स जनजाती गौरव वर्स म्हूण जाहीर केलां. ह्या युवा कुंभांत देशभरांतले आठ हजारां परस चड आदिवासी तरणाटे वांटो घेतले अशें अखिल भारतीय वनवासी कल्याण आश्रमाचे आयोजक सचीव अतुल जोग हांणी आकाशवाणी न्यूज़ांकडेन उलयतना सांगलें.

**शाहा 160**

गृहमंत्री अमित शाहा  हाणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला पुराय ईशान्येकडची राज्य उदरगतीच्या मार्गाचेर आसा हाचेर भर दिला त्रिपुरा सरकारांत .2800 परस चड नेमणूक पत्रांच्या वितरण कार्यावळीक व्हिडियो कॉन्फरन्स वरवीं वांटप करताना ते उलयताले . त्रिपुरा सरकार कसलोच भेदभाव, शिफारशी वा भ्रश्टाचार करिनासतना पुराय पारदर्शकतायेन नोकऱ्यो दिता हाचेर तांणी भर दिलोफाटल्या . धा वर्सांत नरेंद्र मोदी सरकारान त्रिपुरांत शांतताय स्थापन करपा त्रिपुरांतले .खातीर तीन करार केल्यात अशें गृहमंत्र्यान भर दिलो सशस्त्र गट सोपयल्यात ते , शरण आयल्यात आनी मुखेल प्रवाहांत आयल्यात अशें तांणी सांगलेंरियांग -तशेंच मोदी सरकारान ब्रू . लोकांक कायम राबितो, शिक्षण, भलायकी आनी नोकरी संदी दिवन तांच्या जिवितांत सकारात्मक बदल घडोवन हाडल्यात अशें तांणी सांगलें .